Akashvani Panaji National news 8.40 am 3rd September 2025

Modi

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला  की जग भारताचेर विश्वास दवरता आणि भारतावांगडा सेमीकंडक्टर फुडार घडोवपाक तयार आसा. KAL नवी दिल्लीत यशोभूमी हांगा सेमीकॉन इंडिया २०२५ SAचे उक्तावण करताना प्रधानमंत्री मोदी उलयताले. **Byte pm world** तो दिस पयस ना जेन्ना भारताची सगळ्यात लहान चिप जगात सगळ्यात व्हड मोठा  घडोवन हाडटली अशे मोदी हाणी म्हळे **byte chip**

प्रधानमंत्रीमोदी हाणी म्हणाले की जागतिक सेमीकंडक्टर बाजारपेठ येत्या काय वर्षांत एक ट्रिलियन डॉलर्स हुपपाचो अंदाज आसा आणि भारत ज्या वेगान प्रगती करता, त्या वेगान देश या बाजारपेठेत महत्त्वपूर्ण वाटो मेळ्यतलो **byte growing.** उक्तावण समारंभात उलयताना केंद्रीय इलेक्ट्रॉनिक्स आणि आयटी मंत्री अश्विनी वैष्णव .हाणी म्हणले की, इंडिया सेमीकंडक्टर मिशन सुरू जाल्यापासून जग पूराय आत्मविश्वासा भारताकडे पळयता.  त्यांनी पाच सेमीकंडक्टर युनिट्सचे बांधकाम वेगान सुरू आशील्ल्याची माहिती दिली आणि प्रधानमंत्यांक पयली, मेड इन इंडिया चिप सादर केली. **Byte vaishnaV**

---

BHUTAN

भूतानाचे प्रधानमंत्री Dasho Tshering Tobgay आयच्यान भारताचा अधिकृत भेटीचेर येतले. विदेश वेव्हार मंत्रालयाच्या  म्हणण्या प्रमाण चार दिसांच्या भेटी वेळार ते नवी दिल्लीत  पावचे पयलीं गया आनी अयोध्या हांगाच्या कार्यावळींक हाजीर रावपाचे  आसा. राष्ट्रीय राजधानीच्या भेटी वेळार विदेश वेव्हार  मंत्री DR S जयशंकर हांची  भेट जातली अशें विदेश वेव्हार  मंत्रालयान सांगलें.

---

GERMANY

जर्मनीचे विदेश वेव्हार  मंत्री Johann David Wadephul भारताक दोन दिसांच्या अधिकृत भेटीचेर  काल रातीं नवी दिल्ली पावले.ह्या भेटी वेळार ते  वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल आनी विदेश वेव्हार  मंत्री DR S जयशंकर हांची भेट जातली. तांची भेट दोनूय देशां मदली बहुआयामी आनी रणनिती भागीदारी आनीक घटमूट करतली अशे सोशल मिडिया पोस्टांत विदेश वेव्हार मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी सांगलें.

---

GST

जीएसटी काउन्सिलाची छप्पनावी  बसका आयज नवी दिल्लींत सुरू जातली. केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण ह्या दोन दिसांच्या बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटल्यो . कर दर तर्कशुध्द करप आनी अनुपालन सोंपे करप अशा भारताच्या फुडले पिळगेंतल्या जीएसटी सुदारणां विशीं काउन्सिल विचारांत घेवपाची अपेक्षा आसा. हाचे आदीं प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी अंदू स्वातंत्र्य दिसा मार्गदर्शन करतना माल आनी सेवा कराचो राष्ट्राक कसो फायदो जाला हाचेर भर दिलो. जीएसटी खाला फुडले पिळगेंतल्या सुदारणांचें म्हत्व प्रधानमंत्री मोदी हांणी उक्तायिल्लें आनी ह्या कराक  लागून सामान्य मनीस, शेतकार, मध्यम वर्ग आनी एमएसएमई हांकां सुटका मेळटली अशे सांगले .

---

Cm goa

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी दिल्लीत केंद्रीय वाणिज्य मंत्री पियुष गोयल हांची भेट घेतली. उद्येग आनी वेपार वाडोवपावीशी चर्चा जाल्ल्याची माहिती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी दिली.

PM

आयज नवी दिल्लींत जावपी सेमीकॉन इंडिया 2025 सर्तींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी मुखेल कार्यकारी अधिकारीच्या राऊंडटेबलें  परिशदेंत वांटो घेतले. ह्या  परिशदेंत

उद्देग फुडाऱ्यांक एकठांय येवन भारताची अर्दवायू पर्यावरण यंत्रणा आनी ताची वाड आनी उदरगत हांचेर चर्चा जातली. ह्या  बसके वेळार  प्रधानमंत्री मोदी संवसारभरांतल्या मुखेल कार्यकारी अधिकाऱ्या वांगडा  संवाद सादतले.3 दिसांच्या सेमीकॉन इंडिया 2025 परिशदेचें उक्तावण काल नवी दिल्लींतल्या यशोभूमिंत तांणी हांणी केलें.

---

Nitin gadkari

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलें कि , प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी 2070 मेरेन भारताक कार्बन तटस्थ देश करपाचें ध्येय थारायलां.नवी दिल्लींत जाल्ल्या 20व्या जागतीक शाश्वत  शिखर सभेंत मार्गदर्शन करतना  मंत्री गडकरी हांणी, हवामान बदल आनी संवसारीक उश्णताय फुडल्या पिळग्यांक घातक आसा अशें सांगलें. तशेंच खंयच्याय देशाक वा समाजा खातीर पर्यावरणा वांगडाच नीतीशास्त्र, अर्थवेवस्था आनी पर्यावरणशास्त्र खूब म्हत्वाचें अशेंय  तांणी मुखार  सांगलें.

---

ELECTION COMM

एका परस चड मतदारसंघांनी वेंचणूक नोंदणी केल्ल्यान वेंचणूक आयोगान काँग्रेस फुडारी पवन खेराक नोटीस जारी केल्या. नवी दिल्ली मतदारसंघाच्या वेंचणूक नोंदणी अधिकाऱ्यान पवन खेराक ह्या म्हयन्याच्या 8 तारखेक सकाळीं 11 वरांचेर आपली जाप सादर करपाक सांगल्या. नवी दिल्ली आनी जंगपुरा विधानसभा मतदारसंघांत मतदार म्हणून ताचें नांव आशिल्ल्यान ही नोटीस दिल्या.

---

WEATHER

उत्तर भारतांतल्या जायत्या वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडून जम्मू-काश्मीर, हिमाचल प्रदेश, पंजाब, उत्तराखंड, आनी दिल्ली-एनसीआर हांगा भूंयकांप जावन सामान्य जिणेंत व्यत्यय आयलें. सरकार मदत आनी पुनर्वसन यत्नांत सक्रीयपणान वावुरता, बाधित प्रदेशांनी बचाव कार्यावळी सुरू आसात. जम्मू-

काश्मीरांत उटानगराचा पावसाक लागून उदक भरप, येरादारीची गुरगुर , दिसपट्ट्या येरादारी करप्यांक अडचणी निर्माण जाल्यात. मजगती हिमाचल प्रदेशांत फुडल्या 24 वरांत चंबा, कांगडा, कुल्लू जिल्ह्यांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपा खातीर हवामान खात्यान रेड अलर्ट जारी केल्ल्याची म्हायती  दिल्या. पंजाबांत खर हुंवार आयिल्ल्यान  घोग्यांनी पावस आनी न्हंयो भरून वहावत आशिल्ल्यान संकश्ट आनीक वाडत आसा. बारा जिल्ह्यांचेर खर परिणाम जाला.

---

AFGAN JAISHANKAR

व्हड भूंयकांपा उपरांत भारतान अफगाणिस्तानाक मानवतावादी मजत धाडल्या. काल 21 टन मदत साहित्य विमानांतल्यान व्हेल्ल्याचें विदेश वेव्हार  मंत्री DR S जयशंकर हांणी सांगलें. हातूंत तंबू, नितळसाणसामान , उदक सांठोवपाचीं टांकयो, जनरेटर, रांदचे कुडीचीं आयदनां, गरजेचीं वखदां, व्हीलचेर, हँड सॅनिटायझर, उदक शुध्दीकरणाचीं गोळीं, ओआरएस सोल्युशन्स आनी वैजकी उपभोग्य वस्तू हांचो आस्पाव जाता. मंत्री जयशंकर  हांणी सांगलें कि , भारत फुडल्या दिसांनी परिस्थितीचेर नदर दवरून  मानवतावादी मजत धाडपाचे आश्वासन तांणी दिला

---

maoists

छत्तीसगडांत सुरक्षा दळान फाटल्या 24 वरांत बीजापूर जिल्ह्यांतल्या वेगवेगळ्या सुवातींनी सोळा माओवाद्यांक अटक केल्या. जिल्लो राखीव रक्षक आनी केंद्रीय राखीव पुलीस दळाच्या कर्मचाऱ्यांनी जिल्ह्यांत माओवाद विरोधी कारवाय केली. हे कारवायेंत बासागुडा वाठारांतल्यान दोन माओवाद्यांक, गंगळूरांतल्यान स आनी जंगला वाठारांतल्यान आठ माओवाद्यांक धरले. तशेंच तांच्या ताब्यांत स्फोटक पदार्थ आनी हेर सामुग्री मेळ्ळ्यात.

---

IMD

भारतीय हवामान खात्यान आयज छत्तीसगढ, उदेंत राजस्थान, गुजरात, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख,, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, मध्य प्रदेश, ओडिशा आनी विदर्भा ह्या कांय सुवातींनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला .

---

SPORTS

बुध्दिबळांत 2025 वर्साचो संवसारीक कनिश्ट विजेतो प्रणव वेंकटेश हाणी स्पेनाच्या ग्रॅण्डमास्टर ॲलन पिचोटाचेर जैत मेळोवन युएईंत जाल्ले फुजैरा ग्लोबल सुपरस्टार सर्तींत खिताब मेळयलो.